**Akashvani Panaji national news 8.40 am 18th Jan 2025**

**PM**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज अस्तंत बंगाल आनी आसामांतल्यान पांच नव्या अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयांकी पांचवो भावतो दाखय्तले . अस्तंत बंगालांतल्या हुगली सावन ते  तीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयो भावतो दाखयतले . हावड़ा-आनंद विहार टर्मिनल अमृत भारत एक्सप्रेस, सीलदा- बनारस एक्सप्रेस आनी संत्रगाची-तांबाराम अमृत भारत एक्सप्रेस ह्या गाड्यांचो आस्पाव जाता .तशेंच आसामाच्या नागांव जिल्ह्यांतल्या कालियाबोर हांगाय प्रधानमंत्री दोन नव्या अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयांकी बावतो दाखय्तले .कामाख्या-रोहतक अमृत भारत एक्सप्रेस आनी डिब्रूगढ-लखनौ (गोमती नगर) अमृत भारत एक्सप्रेस ह्यो गाडयो आसात. नव्या रेल्वे सेवांक लागून ईशान्य आनी उत्तर भारता मदीं रेल्वे संपर्क घटमूट जातली आनी लोकांक सुरक्षीत आनी सोयीस्कर प्रवास करपाक मेळटलो.

सांजवेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी अस्तंत बंगालांतल्या हुगली जिल्ह्यांतल्या सिंगूर हांगा सुमार 830 कोटी मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण कर्तले . बालागढ हांगा विस्तारीत बंदर गेट प्रणालीचो बुन्याद घालून , उदका येरादारी टर्मिनल आनी रोड ओव्हर ब्रिज आसतलो. सुमार ९०० एकर वाठारांत पातळिल्लें बालागढ हें आधुनीक माल हाताळणी टर्मिनल म्हणून विकसीत करपाचें काम सुरू आसा आनी ताची क्षमता वर्साक सुमार २७ लाख टन करपाची कल्पना केल्या. हाका लागून रस्त्यांची सुरक्षीतताय वाडटली, वाहनांची  गर्दी आनी कोलकाता शारांत प्रदुशण उणें जातलें. तशेंच प्रधानमंत्री जयरामबाती-बरोगोपीनाथपूर-मायनापूर नव्या रेल्वे मार्गाचें उक्तावण करतले. ही मार्ग तारकेश्वर-बिष्णुपूर नव्या रेल्वे मार्ग प्रकल्पाचो म्हत्वाचो भाग आसा .

---------------------------------------------

**PM**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी बोडो शांतताय कबलातीचो समाजाक व्हड फायदो जालो आनी हजारांनी तरणाट्यांनी शस्त्रां आनी हिंसाचार सोडून ते मुखेल प्रवाहांत

आयल्यात अशें  सांगलां. गुवाहाटीच्या अर्जुन भोगेश्वर बरुआ खेळां संकुलांत काल बागुरुंबा द्वौ 2026, पारंपारीक बोडो सांस्कृतीक कार्यावळीक प्रधानमंत्री हाजीर रावले. ह्या संदर्भार बोडो समाजांतल्या धा हजारां परस चड कलाकारांनी बागुरुंबा नाच सादर केलो.केंद्र सरकाराच्या 1500 कोटी रुपयांच्या पॅकेजीच्या आदारान शांतताय कबलाती उपरांत बोडोलँड टेरिटोरियल वाठारांत  प्रधानमंत्र्यान सगळ्यांक मार्गदर्शन केलें. भाजपा फुडारपणा खाला सरकार राज्याची सगली संस्कृताय आनी परंपरेक मान दिता आनी राज्या खातीर केल्लीं वचनबद्धताय तांच्या सरकारान पुराय केल्या अशें प्रधानमंत्री  मोदी हांणी नदरेक हाडलें .

प्रधानमंत्री दोन दिसांच्या आसामाच्या भोंवडेर आसात. फाल्यां ते  एका उदरगत प्रकल्पाची बुन्याद घालतले

--------------------------------------------

**राधाकृष्णन**

भारताक स्वावलंबी आणि विकसित राष्ट्र करपाक फुडली दोन  दसका महत्त्वाची आसतली अशे उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन यांनी म्हणला. या प्रवासात उत्तराखंडची विशेष भूमिका आसतली. अक्षय ऊर्जा, सेंद्रिय शेती, आयुष, पर्यटन, स्टार्टअप्स आणि कुशळताय विकासात राज्यांच्या प्रचंड क्षमतेर ताणी उजवाड घालो. मुख्यमंत्री पुष्कर सिंह धामी यांच्या फुडारपणाखाला उत्तराखंड विकासाची नवीन उंचाय गाठतले असो विश्वास उपराष्ट्रपतींनी व्यक्त केलो. ByteVIKSIT

देहरादूनात जाल्या एका खाजगी कार्यक्रमात माध्यमांच्या भूमिकेर उलयताना उपराष्ट्रपती ,लोकशाहीचो चवथो स्तंभ म्हणून माध्यमांची भूमिका महत्त्वाची आसा. त्यांनी माध्यमांक सकारात्मक आणि विकासाभिमुख उपक्रमांक महत्त्व दिवपाचे आवाहन केले, जाका लागुन तरणाट्यांमदी सकारात्मक विचारसरणी मजबूत जावपाक मदत जातली आणि राष्ट्र उभारणीची भावना बळकट जातली.

--------------------------------------------

**NAIDU**

केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू आशियातली सगळ्यांत व्हडली नागरी विमानन कार्यावळ विंग्स इंडिया 2026 ह्या म्हयन्याच्या 28 तारखेक हैदराबादच्या बेगुम्पेट विमानतळार सुरू करतले. चार दिसांच्या ह्या जागतीक विमान कार्यावळीचो विशय भारतीय विमानन: फुडाराक सशक्त करप - उत्पादन ते देखरेख, समावेशकता ते नवनिर्माण आनी सुरक्षीतताय ते शाश्वतपण . भारताच्या नेटान विस्तारपी विमान आवठांत , ताचें जागतीक पावल, आनी उत्पादन, सेवा, नवनिर्माण आनी शाश्वत विमान उपाय हांचे खातीर एक मुखेल केंद्र म्हणून उदेपाची ताची नदर ह्या कार्यावळींतल्यान उजवाडाक येतली अशी म्हायती नागरी विमान मंत्रालयान दिल्या. तशेंच ह्या कार्यावळींत आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शन, स्थिर विमान प्रदर्शन, उड्डाण आनी एरोबेटिक शो, उंचेल्या पांवड्यावेली आंतरराष्ट्रीय परिशद, विमान नोकरी मेळावो, पुरस्कार सुवाळो आनी सांस्कृतीक कार्यावळी आसतली अशेंय म्हणलां. विद्यार्थ्यां खातीर आनी तरणाट्या वेवसायिकां मदीं नवनिर्माण, समस्या सोडोवप आनी उद्देगीक विचारांक चालना दिवपा खातीर नागरी विमानन नवनिर्माण आव्हान घडोवन हाडटले अशें मंत्रालयान मुखार सांगलें.

--------------------------------------------

**JAIPUR**

राष्ट्रकुलांतल्या 40 देशांतल्यान 120 वांगड्याचें संसदीय शिश्टमंडळ काल दोन दिसांच्या भेटीचेर जयपूर पावलें. प्रतिनिधींनी प्रतिकात्मक आमेर किल्ल्याक भेट दिली आनी थंय तांकां पारंपारीक राजस्थानी येवकार दिलो. किल्ल्याची भव्य वास्तुकला, संस्कृतीक प्रदर्शन आनी लोकसंगीत हाका लागून भोंवडेकारांक खोलायेन प्रभाव पडलो.किल्ल्याच्या राजपूत काळांतल्या इतिहासाची म्हायती ह्या शिश्टमंडळाक दिली आनी दिवान-ए-आम, दीवान-ए-खास, गणेश पोल, शीशमहाल, मानसिंह राजवाडो ह्या मुखेल बांदावळीचो अभ्यास केलो. राष्ट्रकुल राश्ट्रांचे सभापती, वांगडी आनी वरिश्ठ संसदीय अधिकारी आशिल्ल्या ह्या शिश्टमंडळाक जयपूर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार राजस्थान विधानसभेचे अध्यक्ष वासुदेव देवनानी

हांणी येवकार दिलो. तांच्या रावपाच्या काळांत शाराच्या हेर इतिहासीक आनी संस्कृतीक थळांकय ते भेट दितले.

---------------------------------------------

**AIRPLANE**

फाटल्या वर्सा डिसेंबराचे सुरवेक विमान कंपनीन व्हड प्रमाणांत कळाव आनी रद्द केल्ल्यान इंडिगोचेर नागरी विमान येरादारी महासंचालनालय डीजीसीएन इंडिगोचेर 22.20 कोटी रुपयांचो दंड घाला.3 आनी 5 डिसेंबराच्या काळांत 2,507 विमानां रद्द जाल्ल्यान आनी 1,852 विमानांक कळाव जाल्ल्यान वेगवेगळ्या विमानतळांचेर आडखून पडपी तीन लाखां वयर प्रवाशांक असुविधा जाली.इंडिगोच्या कार्यावळींत व्यत्यय येवपाक कारणीभूत जावपी परिस्थितीचो व्यापक नियाळ आनी मुल्यांकन करपा खातीर डीजीसीएन स्थापन केल्ल्या चार वांगड्याच्या समितीन केल्ल्या सविस्तर चवकशे उपरांत हो दंड घाला.

---------------------------------------------

**GOYAL**

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज कॅनडाच्या ब्रिटीश कोलंबियाचो प्रधानमंत्री डेव्हिड एबी हांचे कडेन भारत-कॅनडा अर्थीक भागीदारी घटमूट करपा विशीं चर्चा केली. सोशल मिडिया पोस्टांत मंत्री गोयल हाणी , दोनूय वटांनी वेपार आनी गुंतवणूक सहकार्याक मुखार व्हरपा विशीं चर्चा केल्या, गंभीर खनिजां, उत्पादन, नितळ उर्जा, तंत्रगिन्यान, शिक्षण, संरक्षण आनी नवनिर्माण ह्या सारक्या क्षेत्रांतल्यान सहकार्याचो अभ्यास केला. नव्या संदींक चालना दिवपा खातीर आनी दोनूय राश्ट्रां मदले संबंद खोलायेन वाडोवपा खातीर दोनूय देशांनी शाश्वत संलग्नतायेचें म्हत्व सांगलां

---------------------------------------------

**Mauni Amavasya**

उत्तर प्रदेशांत मौनी अमावस्या निमतान लाखांनी भक्त न्हंयांनी पवित्र बुडटी घेतात. तशेंच प्रयाग राजांतल्या संगम हांगा जावपी माघ मेलाच्या वर्सुकी धर्मीक

कार्यावळीचो हो तिसरो म्हत्वाचो स्नान. मौनी अमावस्याचेर पवित्र बुडटी घेवपा खातीर सकाळीं सावन प्रयागराज हांगा संगम - गंगा, यमुना आनी पौराणीक सरस्वती न्हंयचो संगम - भक्तांनी गर्दी केली. किन्नर आखारा सयत जायत्या आखाडांचे संत आनी द्रष्टीयय संगम हांगा पवित्र बुडटी घेताले.

--------------------------------------------

**वेदर**

भारतीय हवामान खात्यान उत्तर प्रदेशात दाट धुकें पातळपाचो अदमास उक्तायला आयज orange alert जारी केला . फुडले दोन ते तीन दीस दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, आनी बिहार हया वाठारांनी एकसूर्या सुवातीनी दाट धुक्याची परिस्थिती आसतली अशें हवामान खात्यान कळयला

--------------------------------------------

**Sports**

आयसीसी दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या क्रिकेट विश्वचकरंड सर्तींत काल रातीं झिंबाब्वेच्या बुलावायो हांगा जाल्ल्या गट अ मॅचींत भारतान बांगलादेशाक 18 धांवड्यांनी हारयलो.

--------------------------------------------